# गोंय राज्य गिरायक हक्क संरक्षण मंडळाची बसका जाली

ता. 28 मार्च 2025

गोंय राज्य गिरायक हक्क संरक्षण मंडळाची दुसरी बसका नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री श्री रवी नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज पर्वरे मंत्रालयांत जाली.

बसकेक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचीव श्री संजीत रॉड्रिग्ज, आयएएस, गोंय राज्य गिरायक संरक्षण मंडळाचे वांगडी सचीव आनी नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक श्री जयंत जी. तारी आनी मंडळाचे हेर सदस्य उपस्थित आशिल्लें.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचीव श्री संजीत रॉड्रिग्ज हांणी गिरायकांच्या हक्कांचे संरक्षण आनी समर्थन करप ही प्रत्येकाची जबाबदारी आशिल्ल्याचें सांगून सगळ्या संबंदीत यंत्रणांनी योगदान दिवपाची गरज व्यक्त केली.

बसकेत गोंयांत गिरायक संरक्षण कायदो मजबूत करपाच्या विशयाचेर चर्चा जाली. मंडळाच्या वांगड्यांनी अनेक मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो. गिरायक हक्क संरक्षण कायद्याच्या नेमांची अंमलबजावणी, गोंय राज्याखातीर थेट विक्री देखरेख प्राधिकरण यंत्रणा नेम निश्चीत करप, राज्य आयोग आनी जिल्हा आयोगां संबंदीत प्रशासकीय मुद्दे, गोंय राज्यांत बीआयएसचे उपकार्यालय, मंडळा खातीर भोवतो पंगड, दक्षीण गोंयाखातीर गिरायक तडजोड समिती स्थापना, अशां साबार विशयांचेर चर्चा जाली.

सुरवातीक गिरायक विभागाचे सहाय्यक संचालक श्री केतन फळदेसाय हांणी गिरायक हक्क संरक्षण कायदो 2019 विशीं म्हायती दिली.

भारतीय मानक ब्युरोचे सहाय्यक संचालक श्री आशुतोष अग्रवाल हांणी भारतीय मानक ब्युरोची भूमिका आनी जापसालदारकी, कार्य आनी ऑनलाइन कागाळ नोंद करपा खातीर बीआयएस ॲपाविशीं म्हायती दिली.

राष्ट्रीय तपासणी संस्थेचे शास्त्रज्ञ श्री अजय उक्रांडे हांणी विविध अभियांत्रिकी साहित्य आनी तयार उत्पादनांची चाचणी, मूल्यांकन आनी गुणवत्ता नियंत्रण आनी संस्थेच्या हेर कार्याची म्हायती दिली.

मंडळाचे वांगडी अॅड. यतिश नाईक हांणी गोंय राज्याखातीर विशिश्ट गिरायक संरक्षण नेम अधिसूचित करपा खातीर एक उपसमिती स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडलो.

श्री रोलँड मार्टिन्स हांणी जिल्ह पुलीस-सायबर गुन्यांव विभाग, , आरबीआय गोंय कार्यालय, कदंब म्हामंडळ, उदका पुरवण विभाग, एलपीजी एजन्सीचे प्रतिनिधी, डब्ल्यूआरडी, अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय हांका मंडळाचे सदस्य करपाची सुचोवणी केली.

नागरी पुरवण निरीक्षक श्रीमती प्रियंका कुडणेकर हांणी बसकेचे सूत्रसंचालन केले.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक श्री जयंत जी. तारी हांणीय मंडळाच्या वांगड्यांबरोबर चर्चेत भाग घेतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/293

--
---------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.